# राष्ट्रीय अनुसूचीत जाती आयोगाच्या अध्यक्षान एससी/एसटी येवजणांचो नियाळ घेतलो

ता.28 डिसेंबर 2017
7 पौष 1939

राष्ट्रीय अनुसूचीत जाती आयोगाचे उपाध्यक्ष श्री. एल. मुरूगन हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज सचिवालयात जाल्या बसकेत राज्य सरकारावतीन गोंयच्या एससी/एसटी लोकांच्या फायद्याखातीर राबोवपात येवपी वेगवेगळ्या येवजणांचो नियाळ घेतलो.

श्री. मुरूगन हांणी 2011 चो एससी/एसटी जनगणना अहवालातलो आकडो बरोबर नाशिल्ल्यान एससी/एसटी लोकसंख्या सर्वेक्षणाचे काम नव्यान करपाची सुचोवणी केली. अहवालात एससी विद्यार्थ्यांची संख्या 8 टक्क्यांनी कमी जाल्लेखातीर श्री. मुरूगन हांणी हुस्को उक्तावन ताची कारणां सोदपाक सांगले.

समाज कल्याण सचिव श्री. डब्ल्यू. व्ही. रमणमूर्ती, पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर, गोंय राज्य अनुसूचीत जाती-जमाती आयोगाचे आयुक्त श्री. प्रकाश वेळीप, अतिरिक्त सचिव (पर्सनल) श्री. यतींद्र मराळकर, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्रीमती निला मोहनन, प्रोसेक्यूशन संचालक श्रीमती सरोजीनी सार्दिन, उपजिल्होधिकारी (दक्षिण) श्री. अमिर परब, आदिवासी कल्याण खात्याचे उपसंचालक श्री. सांतान फर्नांडिस, पालवी संचालक देऊ गावकर, श्री. सुदेश गावडे आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्लें.